
# चिरपूट

डिसेंबर 2015 - फेब्रुवारी 2016



गिन्यानाच्या रानांत

पुस्तकांचें झाड

वाचुंया पुस्तकां

तीर धरून पाड



गवो हो गोंयचो राज्य प्राणी.
पुराय वाडिल्ल्या गव्याचें वजन
400 ते 1500 किलो आसता.
गव्याची उंचाय 170 ते 230
सें.मि. आसता.

(नांव बरवप)

हो अंक ______________ चो

# मांडावळ


मुखचित्र - अपेक्षा नाडकर्णी

पुस्तकांचें झाड - चेतन आचार्य ....................1

चलात पासयेक - उल्हास गांवकार....................2

पाख्याकय दुखता - नयना आडारकार ..............4

चित्र - पलक प्रसाद तुकोजी, विद्यावर्धिनी मुळावी शाळा, तुयें

पिचकारी - वेद प्रभुदेसाय ................................8

ऋषिकाका सांगता - ऋषिकेश कदम ................10

चित्र - सत्यम आचार्य

नातालां - एदुआर्द लॉरेन्स ..................................11

अक्षर कुवाडें - रिया गांवकार ..............................14

थोडें आमचें, थोडें तुमचें - रत्नमाला दिवकार............15

चित्र - साहिर पेटकार

वा! करपाक सोंप्पें ..............................................16

कुपुल्लें - जुझे लॉरेन्स ..........................................18

चित्रां - एदुआर्द लॉरेन्स

सांग कित्याक - ग्वादालूप डायस..........................22

चित्र - सत्यम आचार्य

आवंय कळना? कूय कूय ....................................23

चित्र - निखील नाईक





**संपादक मंडळ**

| | | |
|---|---|---|
| रत्नमाला दिवकार | चेतन आचार्य | दिनेश मणेरकार |
| 7875227761 | 9422389290 | 9552551425 |
| जुझे लॉरेन्स | ऋषिकेश कदम | कलानंद बांबोळकार |
| 9822184740 | 7588925295 | 9823105373 |


मोल
रु. 30/-

# पाख्र्याकय दुख्रता



सुजा आनी राजय घरांतच खेळटालीं.



इतल्यांत जनेलांतल्यान पाख्रो भितर आयलो.



दाराक लायिल्ल्या पड्ड्याचेर बसली.



हांव धरतां पाख्याक म्हूण सुजान हात फुडें केलो.



तसो राजयान सुजाचो हात घट्ट धरलो.



आवयस! दुखता, सोड. सुजा व्हडल्यान आड्डलें.



पाख्याकय धरल्यार दुखता.




तीं पाख्याक पळयत रावलीं.




# चलात, जिवाणीं रंगोवया



**सामान**

अ.ब्रश

आ.पेन्सिल

इ.पोरणें बॉल पेन

ई.पोस्टर/ट्यूब रंग

उ.चिकणमाती/बाजारांत तयार मेळटा तो प्लेडॉ

1




1. पेनाच्या मदीं चिकणमाती वा प्लेडॉ रेवडावपाची.
2. मागीर पेन्सिलीच्या तोंकान ते रेवडायिल्ले चिकणमातयेंत जाय तसले डिझायन कोरांतपाचे.
3. कोरांतिल्ल्या डिझायनांत उदक घालिनास्ताना दाट रंग लावपाचो.
4. पेनाचें बुकेल काडून पेन लाटणें कशें एका कागदाचेर भोंवडावपाचें.

2



3




4





# ऋषीकाका सांगता

आमी सगळींच जाणात,
नुस्तीं उदका भायर काडलीं की मरतात.
पूण सगळींच नुस्तीं अशीं आसनात.
तुमी जाणात,
'लंग फीश' म्हूण नुस्तें आसता.
तें उदकांतल्यान भायर काडटकच
चार वर्सां मेरेन जितें उरपाक शकता.
अजाप न्हय?





नाताळां



## चौकटांतलीं वेताचीं आयदनां सोदून काडात

# अक्षर कुवाडें



| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| | सू | प | अ | |
| व | मी | ट | पु | |
| ल्ली | लो | व | लो | ग |
| ग | शी | सां | गि | शी |
| ई | ज | शी | मी | प |
| प | शे | ण | पो | ज |
| चा | ग | अ | ई | लो |
| पां | ट | लो | व | पु |
| ज | बू | ग | प | गि |





# थोडें आमचें, थोडें तुमचें

(कविता पुराय करात)

इटूक मिटुकली
सोदता तांकां उडत उडत
बिरमूट पिटुकली
फुलपाखो बसलो ------------ फुलार
भोंवरो लिपलो ------------
गांयडोळ रिगलो ------------
मूंय घुसली ------------
आपालिपा साय लिपा
काण कोण खंय लिपला
बिरमूट बाये सोदून काड
एक दोन तीन





बेबो बसलो ------------
चिवू लिपलें ------------
जल्लो रिगलो ------------
हुंदीर रिगलो ------------
आपालिपा साय लिपा
कोण कोण खंय लिपला
बिरमूट बाय सोदून काड
एक दोन तीन



# वा! करपाक सोंप्पें




























## 8 किलो मैरेन सामान व्हांवोवपाक खबरांपत्राची पोती


1. खबरांपत्राची दोन पानां पुराय उक्ती करात.
2. तीं परतीं करात म्हणटकच दोडिल्लो भाग वयर येतलो.
3. चित्रांतले प्रमाण दाव्यांतल्यान उजव्यान दोडात
4. आतां उजव्यांतल्यान दाव्यान दोडात म्हणजे पयली दोडिल्ल्या भागाचेर अर्दो भाग येतलो.
5. दोनय वटेनच्यान निमणें तोंक स्टेपल करात.
6. मदीं टेप लायात.
7. भितरल्या जोडणेचेर टेप लायात.
8. दोनय वटेन 'V' आकारांत दोडात.
9. हाका लागून बॅगाक दाटसाण मेळटली.
10. सकयल्ली तोंका स्टेपल करात.
11. स्टेपल केलां थंयच्यान 2 सेंन्टीमिटर दोडात.
12. दोडिल्लो भाग फकत वेल्यान स्टेपल करात
13. सगळ्या जोडिल्ल्या भागांक टेप लायात.
14. पोतयेक हँडल करपा खातीर 2 कार्ड शीट 12×6 सेंटीमिटर आकारांत कापात. शीट दोडात.
15. कार्ड शीट पोतयेक स्टेपल करात.
16. टेप लायात आनी ताका बुराक घालात. त्या बुराकांत सुतली लावन हँडल करात.


10


11


12


13


14


15
BSP will field four Brahmins in state
Central bank cuts repo rate again


16
Lahore attack LeT's bid to releas
BSP will field four Brahmins in state
Central bank cuts repo rate again





# कुपुल्लें

''म्हज्या म्हऱ्यांकूच राव आं.'' आवय कुपान तिच्या धाकटुल्या कुपुल्ल्याक सांगलें. सुर्या दर्यांत देंवतालो. उदेंतेच्यान वारें उठिल्लें आनी सगळ्या कुपांक पश्चिमेक लकयतालें.

''बरें मम्मी,'' कुपुल्ल्यान म्हणलें. धाकुटल्या कुपुल्ल्याक जल्माक आयिल्ल्याक फकत दोनूच दीस जाल्ले. हांगा-थंय पळोवपाची आनी भोंवपाची तिका उमेद आसली. धरतरी सकलाक दिसताली. खूब पयसशी तिनसांज आयली तशी मळबांत नकेत्रां चकचकपाक लागलीं. धरतरी पयस आनी नकेत्रां लागीं अशीं दिसलीं.



कुशीक सवणीं खेळटात तीं पळोवन कुपुल्लें तांचे बराबर खेळूंक लागलें. आवयन सांगिल्लें तें विसरलें. मदींच एक मोटें वारें आयलें आनी कुपुल्ल्याक उबारून दुसरेच कडेन घेवन गेलें. हेर कुपांक सोडून कुपुल्लें पयस पावलें.

थोड्या वेळान वारें बंद जालें. काळखे राती कुपुल्लें सामकेंच एकटें पडलें. ताणें हेवटेन-तेवटेन पळयलें. ताका एक चकचकीत नकेत्र दिसलें. मळबांतलें सगळ्या नकेत्रां परस हें चड चकचकतालें.

''तूं कितलें चकचकता!'' कुपुल्ल्यान त्या नकेत्राक म्हणलें.

''हय, हांव कितलें सोबीत न्ही?'' नकेत्रान म्हणलें. ''पूण हांव नकेत्र न्हय. हांव प्लॅनेट व्हिनस. सांज वेळार आनी फांतोडेर सगळ्या नकेत्रां मदीं हांवूंच चड चकचकीत दिसतां. हाका लागून म्हाका मॉर्नींग स्टार वा इव्हनींग स्टार म्हणटात.''

''तुवें म्हजे मम्मीक पळयलां?''

''ना. पूण थंयसर कासादोर ऑरायनाक विचार. ताका खबर आसत.''





कुपुल्लें फुडें सरलें आनी ऑरायन कॉन्स्टेलेशन (हो एक नकेत्रांचो पंगड) हाचे कडेन पावलें. मळबांत एक व्हडलो मनीस उबो रावला अशें दिसलें. ताच्या कमराक तीन-नकेत्रांचो एक पट्टो आशिल्लो.

''कासादोर ऑरायनबाब, तुवें म्हजे आवयक पळयल्या? मोटीचशी. आंगान गुबगुबीत.''

''बाये, म्हाका सगळीं कुपां एकूचशीं दिसतात,'' ऑरायनान म्हणलें. मात्शें चिंतून ताणें म्हणलें, ''पूण कांय म्हातारेच्या केंसां भशेन दिसतात. आनी हेर तांतयांचे भुर्जी भशेन दिसतात.

''तुका कासादोर कित्याक म्हणटात?''

''ग्रीस देशांत एक नामनेचो कासादोर आशिल्लो. ताचें नांव म्हाका दिलें.''

''म्हजी आवय म्हाका खंय मेळटली?''

''म्हाका खबर ना बाय, पूण ती यो मेरेन त्या बेबी वांश्वेला वांगडा खेळ.''



कुपुल्लें वारें हुपीत धाकटुल्या वांश्वेला कडेन पावलें. ह्या नकेत्राच्या पंगडाक एक लांब शेंपडी आसली.

''तुका धाकटुलें वाश्वेल म्हूण कित्याक म्हणटात? वाश्वेलाक इतली लांब शेंपडी आसना.''

''म्हजें नांव उरसा मायनर, म्हणजे ल्हान वाश्वेल. म्हज्या पोंताक नॉर्थ स्टार आसा - उत्तर नकेत्र. आमी सगळीं उत्तरेंतलीं नकेत्रां ह्या नॉर्थ स्टाराचे भोंवतणीं घुंवतात. इतल्या शेंकड्यांनी घुंवन घुंवन म्हजी शेंपडी लांब जाल्या.

''तुवें म्हजे मम्मी कुपाक पळयल्या?''

''चल वच आनी त्या उत्तर नकेत्राक विचार. तो खूब बुदवंत. ताका सगळें खबर आसा.''



कुपुल्ल्यान वचून उत्तर नकेत्राक विचारलें - “तुका सगळ्यांची खबर आसा? तुका इतलें कशें कळटा?”

“बाये, हांव खूब जाण्टों. म्हाका पोलारीस ह्या नांवानूय वळखतात. मळबांत सगळें घुंवता, पूण हांव हांगा एकूच कडेन रावन सगळें पळयतां. जेन्ना तारवटी दर्यांत सांडटात, तेन्ना ते म्हाका पळोवन घरा पावतात.”

“पोलारीसमाम, हांव तुजे इतलें जाण्टें जातलें?”

“तूं एक कुपुल्लें. तूं व्हड जातलें आनी पावस जावन धतरेर पडटलें. थंय तूं झाडांक, फळांक, फुलांक उर्बा दितलें.”


“आ! म्हाका एक व्हडलें धवें फूल जावपाक जाव.” कुपुल्लें हांसलें. “पूण म्हजी आवय खंय गेली?”

“पासियेंस घे, कुपुल्ल्या.” पोलारीसमामान म्हणलें. “वारें बदलता आनी सगळें जें गेल्लें तें परतून येता. थंय पळय, तुजी आवय आनी घरचीं कुपां येतात.”

“हय! आयलीं! तीं सगळीं घुंवन हांगा परतीं पावलीं. मम्मी, हांव हांगा आसां!”

आवय कूप आपल्या कुपुल्ल्याक लागून खूब हुस्केल्ली. कुपुल्ल्याक पळोवन खूब खोशी जाली. कुपुल्ल्यान आवयक वेंग मारली. कुपुल्ल्याच्या दोळ्यांत दुकां आयलीं आनी तीं पावस जावन धतरेर पडलीं.





## सांग कित्याक

दर्याच्या पोटांत
ल्हारां घालीं कोणें?
येद्याशा झाडाक
जावचे कशे चणे?

कोगळाचो आवाज
गोड कित्याक आसता?
पावसाच्या दिसांनी
मोर कित्याक नाचता?

दोंगराचे तेंगशेक
मळब तेंकता काय?
कितलेशेच प्रस्न म्हजे
म्हाका जाप जाय.

# आवंय कळना?






**आजी: बाबू, जेव बेगीन, नाजाल्यार कावळो व्हरतलो माम्माम तुजो.**

**बाबू: खंय आसा गे कावळो?**

**आजी: तो पळय झाडार बसला.**

**बाबू: तो बसला काय उबो आसा गे?**

**आजी: आं!**



वर्सुकी पटी: 100 रूपया  तीन वर्सांची पटी: 250 रूपया

नांव: ____________________

घर क्रमांक : __________ वाडो/मार्ग : __________ गांव /शार: __________

पीन कोड: __________ फोन : __________

ई-मेल: ____________________

चेक/ड्राफ्ट : कोंकणी भाशा मंडळ (Konkani Bhasha Mandal) नांवान काडचो



**अब्दुल इस्लाम सिरगोड,** बालभारती, विद्यामंदीर



**वैभव सुभाष पार्सेकार,** बालभारती, विद्यामंदीर



**अजय दामू शिरोडकार,** बालभारती, विद्यामंदीर



**शाबीर अन्सारी,** बालभारती, विद्यामंदीर



**इशान काकोडकार,** विद्याभुवन कोंकणी शाळा



**सुजय हळदणकार,** विद्याभुवन कोंकणी शाळा

चिरपूट (डिसेंबर 2015 - फेब्रुवारी 2016)

# कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय

## KONKANI BHASHA MANDAL, GOA

कोंकणी भाशा मंडळ

कोंकणी भवन, शंकर भांडारी मार्ग, विद्यानगर, मडगांव, गोंय 403 601 फोन: 2750585 रजि. क्र. 341/63

Website: www.konkanibhashamandal.com Email: chirput@konkanibhashamandal.com